**पर्पल फेस्ट हे दिव्यांग व्यक्तींच्या**
**जीणेत दृश्यमानताय, प्रतिष्ठा आनी अभिमान हाडपी चळवळ आसा-श्री सुभाष फळदेसाय**

*नवी दिल्लीत दिव्यांगविशी आसपावीत आनी परस्पर संबंदीत वृत्तांकनाचेर माध्यम संवेदनशीलता कार्यशाळा जाली*

ता. 24 सप्टेंबर 2025

रायझिंग फ्लेम हांणी भारत सरकारच्या दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण विभाग, गोंय राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयुक्त कार्यालय, भारतातलो संयुक्त राष्ट्र संघ आनी संयुक्त राष्ट्र महिला हांच्या सहकार्यान 22 सप्टेंबर दिसा 'वी द पीपल्स हॉल', संयुक्त राष्ट्र संघ, नवी दिल्ली हांगा आंतरराष्ट्रीय पर्पल फेस्ट 2025 गोंयचो पुर्व कार्यक्रम म्हूण दिव्यांगाचेर समावेशक आनी परस्पर संबंदीत वृत्तांकनाचेर मीडिया संवेदनशीलता कार्यशाळा 'स्पॉटलाइट' आयोजीत केल्ली. ह्या कार्यशाळेत देशभरातले न्यूजरूम आनी हेर माध्यमावरवीं दिव्यांगांचे प्रतिनिधित्व करपाचेर लक्ष केंद्रित करपा खातीर 50 पत्रकांर, संपादक, मीडिया आनी संपर्क वेवसायिक सहभागी जाल्लें.

दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण आनी समाज कल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांणी ह्या वेळार कार्यशाळेत सहभागी प्रतिनिधींक संबोधीत करतना दिव्यांग व्यक्तीं खातीर समावेशकता, सुलभता आनी सक्षमीकरणाक प्रोत्साहन दिवप हो पर्पल फेस्ट आयोजीत करपा फाटलो उद्देश आशिल्ल्याचें सांगलें.

“इंटरनॅशनल पर्पल फेस्ट, गोंय हो न्हय फकत एक कार्यक्रम जाल्यार तो दिव्यांग व्यक्तींच्या जीणेत दृश्यमानताय, प्रतिष्ठा आनी अभिमान हाडपाची एक चळवळ आसा, अशें मंत्र्यान सांगलें. श्री. फळदेसाय हांणी प्रसार माध्यमांक आंतरराष्ट्रीय पर्पल फेस्टच्या रूपान गोंय सरकारच्या फुडारपणाखाला आयोजीत करपात येवपी ह्या जागतिक चळवळींत सामील जावपाचो आनी विविधताय आनी समावेशकताय स्वीकारपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार संयुक्त राष्ट्रांच्या भारतातले निवासी समन्वयक श्री शोम्बी शार्प, गोंय सरकारच्या दिव्यांग व्यक्तीं खातीरच्या राज्य आयुक्त कार्यालयाचे सचीव श्री ताहा हाझिक, भारत सरकारच्या सामाजिक न्याय आनी सक्षमीकरण मंत्रालयाच्या दिव्यांग व्यक्ती सक्षमीकरण विभागाच्यो उपमहासंचालक श्रीमती रिचा शंकर उपस्थित आशिल्ल्यो.

राज्य दिव्यांग व्यक्ती आयुक्त कार्यालयाचे सचीव श्री ताहा हाझिक हांणी पर्पल थिंक टँक, पर्पल कन्व्हेन्शन्स, पर्पल एक्सपिरीयन्स झोन अशा चार संकल्पनाचेर आयोजीत करपात येवपी पर्पल फेस्टची म्हायती दिली. आंतरराष्ट्रीय पर्पल फेस्ट सर्जनशीलता, प्रतिभा आनी हेर गुण आनी क्षमतेचो सोद घेता, अशें तांणी सांगलें.

रायझिंग फ्लेमच्यो संस्थापक आनी कार्यकारी संचालक निधी गोयल हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले. दिव्यांगत्वाचेर जाल्ल्या चर्चासत्रात विवीध माध्यमांच्या प्रतिनिधांनी भाग घेतलो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/777

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.